**म्हायती आनी प्रसिध्दी सचिवांची आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यातल्या  गोंयच्या दालनाक भेट**

22 नोव्हेंबर 2023

म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. सुभाष चंद्रा हांणी नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर चालू आशिल्ल्या  42 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यातल्या गोंयच्या दालनाक काल भेट दिली.

म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक आनी सहाय्यक म्हायती अधिकारी शांतो नाईक हांणी सचीवांक येवकार दिलो.

गोंयच्या  पॅव्हेलियनाची सजावट "वसुधैव कुटुंबकम" ह्या संकल्पनेचेर केल्ली आसून पॅव्हेलियनाची सोबीत सजावट पळोवन श्री. चंद्रा हांणी समाधान उक्तायले. तशेंच तांणी गोंयच्या कारागिरांच्या हस्तकला वस्तुंच्या प्रदर्शनाची पळोवणी करतना कारागिरीची तोखणाय केली आनी कारागिरांकडेन संवाद साधलो.

गोंयच्या पॅव्हेलियनाक दिल्लीकारांसयत देशातच्या हेर वाठारांतल्या लोकांकडल्यान भरपूर प्रतिसाद मेळटा.

दिनेश प्रियोळकर हांच्या फुडारपणाखाला प्रियोळच्या कला संगम पंगडान सादर केल्ल्या सांस्कृतिक कार्यक्रमाचोय म्हायती सचिवान आस्वाद घेतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/898

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.